# अभ्यासक्रमात नागरीक जाणीव विशयांचो आस्पाव केल्लेखातीर राज्यपालाकडल्यान तोखणाय

ता. 8 ऑगस्ट 2018
17 श्रावण 1940

शिक्षण संचालनालयान चालू शिक्षणीक वर्सासावन अभ्यासक्रमात रस्तो सुरक्षा, नितळसाण, कोयर वेवस्थापन अशा नागरीक जाणीवेच्या विशयांचो आस्पाव करपाक पावलां उबारिल्लेखातीर डॉ. (श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी तोखणाय केल्या. राज्यपाल काल राजभवनार जाल्ल्या रॅगिंगाआड उपाय देखरेख समितीच्या बसकेत उलयताल्यो.

रॅगिंग सारख्या वायट प्रवृत्तीच्या आळाबंदाखातीर वेवसायिक आनी तांत्रिकी शिक्षण संस्थांनी अंमलबजावणी केल्ल्या वेगवेगळया उपाय येवजणांचो नियाळ घेवन राज्यपालान अभ्यासक्रमात नागरीक जाणीव विशयांचो आस्पाव केल्ल्यान भुरग्यांच्या मनात सुरवातेसावनच ब-या मुल्यांची रूजवण जावपाक मदत जातली, अशें सांगले.

राज्यातल्या शिक्षणिक संस्थांनी रॅगिंगाचो प्रकार नाशिल्लेखातीर राज्यपालान रॅगिंग आळाबंदाखातीर केल्ल्या उपायांचेर समाधान उक्तायले आनी शिक्षणिक संस्थांनी कसलोय कार्यक्रम आयोजित करतना रॅगिंग हे उतर टाळपाक जाय अशें सांगले. पूण राज्यपालान महाविद्यालय कॅम्पसांनी विद्यार्थ्याकडल्यान घुंवळी वखदांचो वापर जाता म्हणपाच्या तशेच रस्त्यांचेर अपघातांनी वाड जावपाच्या खबरांविशी हुस्को उक्तायलो.

राज्यपालान फुडें म्हणले, पालक आपल्या भुरग्याकडल्यान चड अपेक्षा करता आनी ते खातीर भुरग्यांचेर ताणतणाव पडटा. पालकांनी आपल्या भुरग्यांचेर दबाव घालचो न्हय. आयच्या भुरग्यांक ल्हान पिरायेचेरच रक्तदाब, डायबेटीस हयासारखी दुयेंसा जावपाक लागल्या, ते खातीर पालकांनी आपल्या भुरग्यांच्या खाणा-जेवणाचेर लक्ष दिवपाक जाय. राज्यपालान शिक्षणिक संस्थांक आपल्या कॅम्पसांनी रॅगिंगविरोधी, घुंवळी वखदा प्रतिबंद नियम आनी कोयर वेवस्थापनाची जाणीव करून दिवपी पोस्टर्स लावपाची सूचोवणी केली.

गोंय विद्यापिठाचे उपकुलगुरू प्रो. वरूण साहनी हांणी हया वर्सा गोंयच्या महाविद्यालयांनी फकत एका सायबर रॅगिंग प्रकरणाची नोंद जाल्ल्याची म्हायती दिली. प्रो. साहनी हांणी फुडे सांगले, आताच्या दिसांनी रॅगिंगाच्या प्रकारांनी बदल जाल्लो आसा. सायबर माध्यमातल्यान रॅगिंगाच्या प्रकारांनी वाड जाल्ली आसा. ते खातीर शिक्षणिक संस्थांनी चड जागरूक जावपाक

जाय.  शिक्षणिक संस्थांनी नवीन प्रवेश घेवपी आनी सिनियर विद्यार्थ्यांमदी पोशक आनी सकारात्मक नाते निर्माण करपाचे मत उक्तायले.

पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर हांणी पुलीस खात्याकडेन रॅगिंग संबंदीत कसलीच कागाळ नोंद न जाल्ल्याचे सांगले.  डॉ. चंदर हांणी विद्यार्थी वर्ग आनी लोकांच्या फायद्याखातीर शिक्षणिक संस्थांनी आपल्या विद्यार्थ्यांच्या सहभागान रस्तो सुरक्षा सारखे प्रकल्प राबोवपाक सांगले.

गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी हॉस्पिटलाचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक हांणी गोंय वैजकीय महाविद्यालय प्रकल्पात रॅगिंग सारख्या घडणूकांचेर देखरेख दवरपाखातीर रॅगिंगविरोधी पंगड दिसरात उपलब्ध आसता म्हणपाचे सांगले आनी विद्यार्थ्यांक सक्तीन रॅगिंगविरोधी सोपूत दितात, अशेय तांणी सांगले.

राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेशकुमार ठाकूर हेवूय बसकेक हजर आशिल्ले.  सुरवेक शिक्षण सचिव श्रीमती निला मोहनन हांणी बसकेक हजर आशिल्ल्या सगळया वांगडयांक येवकार दिलो.  उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर हे बसकेचे निमंत्रक आशिल्ले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1419